# 14 एप्रिलाक डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती

ता.11 एप्रिल 2018
21 चैत्र 1940

भारतरत्न डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांची 127 वी जयंती ता. 14 एप्रिल 2018 दिसा मनयतले. राज्य पातळीवयलो मुखेल कार्यक्रम पणजेच्या कदंब बसस्थानकालागीच्या डॉ. आंबेडकर पार्कात सकाळी 10.30 वरांचेर जातलो. समाज कल्याण संचालनालय आनी गोंय राज्य एससी/एसटी वित्त विकास महामंडळाच्या जोड पालवान हया कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

भौशिक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आसतले. पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर मानाचे सोयरे आसतले तर समाज कल्याणमंत्री श्री. पांडुरंग मडकयकर कार्यक्रमाच्या अध्यक्षस्थानी आसतले.

मानेस्तांच्या हस्तूकी डॉ. बाबासाहेब आंबेडकराच्या पुतळयाक फुलांहार घालून कार्यक्रमाक सुरवात जातली.

हयावेळार मानेस्तांच्या हस्तूकीं अनुसुचित जातीतल्या एस.एस.सी आनी एच.एस.एस.सी परीक्षेतल्या गुणवान विद्यार्थ्याचो सन्मान करपात येतलो. तशेंच डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कार भेटोवपात येतलो.